प्रादेशिक खबरो ०४.10.२०२५ @ ७.25 am

मोदी 130

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां नवी दिल्ली सावन 62 हजार कोटी रुपया परस चड मोलाच्या तरणाट्यां केंद्रीत वेगवेगळ्या उपक्रमांचें उक्तावण करतले. तरणाट्यांची कुशळटाय उदरगत करपा खातीर इतिहासीक उपक्रमांत प्रधानमंत्री देशभरांतल्या 1 हजार सरकारी आयटीआयच्या उदरगती खातीर पीएम-सेतू सुरू करतले.तशेंच मोदी बिहारांत सुदारीत मुखामंत्री निश्चय स्वयं सहाय भत्ता येवजण सुरू करतले, जातूंत पाच लाख पदवीधरांक दोन वर्षांखातीर एक हजार रुपया मासिक भत्तो दितले.

शाह 30

राज्यातल्या बेकायदेशीर वा अनियमित घराचो प्रश्न सुटावो करपाक फाल्या डो शामाप्रसाद मुखर्जी स्टेडीयमात आयोजीत कार्यावळीत घर मंत्री अमित शाह ह्या मझे घर येवजनेचे अर्ज दिवपाचो शुभारभ करतले. हाचो फायदो सुमार 6 हजार कुटुंबाक जातलो

अरविंद 50

आम आदमी पक्षाचे मया हांगा नव्या कार्यालयाचे उक्तावण करपाक पक्ष फुडारी अरिंद केजरीवाल आज गोयात येतले .सुवालो सकाळी अक्ह्याराक जातलो. कार्यालयात लोकाक नवे मतदार कार्ड करप मतदार कार्ड आधार कार्ड पेन कार्ड जेष्ठ नागरिक कार्ड अद्ययावत करप तशेच लादली लक्ष्मि येवजन गृह आधार जेष्ठ नागरिक येवजन DDSSY भालायकि विमो किसान कार्ड करपाक लोकाक मजत करतले .

डेस्क 180

बालरोग जतनायेत वखदांचो तर्कशुध्द वापर आनी दुयेंती सुरक्षीतताय सुनिश्चीत करपाच्या चालू यत्नांत, भुरग्यां खातीर खोंकलेचे वखद योग्य रितीन दिवपाची गरज भलायकी आणि कुटुंब कल्याण मंत्रालायान सगळ्या राज्या आणि केंद्र शासित प्रदेशांक जारी केल्या सल्लागार वेळेरीत आणि मार्गदर्शक तत्वां भलायकी सेवा संचालानालायान दिल्या . भुरग्यांमधले चडशे तीव्र खोंकल्याचे दुयेस आपशींच बरे जातात आनी चड करून वखद दिल्या शिवाय बरे जातात. 2. खोंकली आनी थंडेचीं वखदां 2 वर्सां सकयल्या भुरग्यांक बरोवन दीवची नी वा दिवंक फावना. सादारणपणान 5 वर्सां सकयल्या आनी ताचे परस चड पिरायेच्या भुरग्यांक तांची शिफारस ना. खंयच्याय वापरा वांगडाच बारीकसाणीन वैजकी मूल्यमापन, बारीकसाणेन नदर दवरप आनी फावो त्या डोसाचें खर पालन, उण्यांत उणो प्रभावी काळ आनी जायत्या वखदांचो संयोजन टाळप. ते भायर दोतोरान सांगिल्ले प्रमाण वखदां पाळो दिवपा विशीं भौसाकय संवेदनशील करूं येता. 3. फावो तें हायड्रेशन, विसव, आदार दिवपी उपाय अशे बिगर वखदी उपाय हे उपचाराची पयलो मार्ग आसूंक जाय. 4. सगळ्या भलायकी जतनाय सुविधांनी आनी क्लिनीकल आस्थापनांनी उत्पादन पद्धतींअंतर्गत उत्पादित आणि फार्मास्युटिकल-ग्रेड वखदां दर्ज्याच्या सहाय्यक पदार्थांनी तयार केल्ल्या उत्पादनांची खरेदी वितरणाची खात्री करची. आपल्या अधिकारक्षेत्रांतल्या सगळ्या राज्य/केंद्र केंद्र भलायकी खात्यांक, जिल्लो भलायकी अधिकारी आनी सगळ्या क्लिनीकल आस्थापनांक/भलायकी सुविधांक सरकारी क्लिनीक, प्राथमीक भलायकी केंद्रां, सीएचसी, जिल्लो हॉस्पिटलांनी ही अधिसुचोवणी चालीक लावपाची आनी प्रसार करपाची विनंती केल्या.

डेस्क 75

स्वस्थ नारी सशक्त परिवार" मोहीम 18 लाखां वयर भलायकी शिबिरांनी जाली, देशभरांतल्या सुमार 10 कोटी नागरिकांनी व्हड प्रमाणांत वांटो घेतलो आनी 6.5 कोटी वयर बायलांक फायदो जालो.1.78 कोटी वयर नागरिकांची उच्च रक्तदाबाची तपासणी जाली; 1.72 कोटी लोकांची गोडेंमूत तपासणी जाली. 37 लाखां वयर बायलांक स्तनाच्या कॅन्सराची तपासणी जाली; 19 लाखां वयर बायलांक गर्भाशयाच्या कॅन्सराची तपासणी जाली आनी 96 लाखां वयर बायलांक तोंडाच्या कॅन्सराची तपासणी जाली.62.60 लाखां वयर बायटेरा आदीची तपासणी केल्ली; 1.43 कोटी वयर भुरग्यांक जीवनरक्षक लस दिल्यो

Dip 50

पोरन्या गोंयच्या फेरी रॅम्पाची दुरुस्ती वेळार, पोरन्या गोंयच्या मार्गाचेर फेरी सेवा 06 ऑक्टोबर ते 19 नोव्हेंबर 2025 मेरेन बंद आसतली अशें बेतीचा न्हंय येरादारी खात्यान भौसांक कळीत केला. वयल्या काळांत वेळापत्रका प्रमाण सेंट पेद्रू-दिवार मार्गाचेर चार फेरीबोटी तैनात करतले.न्हंय येरादारी खात्यान फेरी सेवा सुरळीत उरपाक भौसाक सहकार्य दिवपाची विनंती केल्या.

**स्पोर्ट्स 15**

गार्डियन एनजल स्पोर्ट्स क्लबान गोवा प्रोफेशनल लीग फुटबॉल सरतीत बिदेश इलेव्हनाचेर वर्चस्व राखताना 3 आड 0 फरकान जैत मेळयले.

तापमान 60

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 31.2 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २४.6 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी हल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता

.तशेच वारे वराक 40 ते 50 कि मी वेगान व्हाव्तले ताचो वेग 60 किमी इत्लो वाडू येता ह्या काळात नुसते मारप्यानी खोल दरयात वचचे नी अशे वेधशाळेन शीटकायला